गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

प्रजासत्ताक संचलनाक हजर रावपाक आदिवासी सदस्यांकडल्यान अर्ज मागयल्या

ता. 13 सप्टेंबर 2019

केंद्रीय आदिवासी वेव्हांर मंत्रालयान नवी दिल्लीत 2020 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलनाक हजर रावपा खातीर गोंय राज्यातल्या मागास आदिवासी समाजातल्या खंयच्याय अनुसूचीत जमातीच्या एक दादलो आनी एक बायल मेळून दोगां आदिवासी प्रतिनिधींक आमंत्रीत केला.

नवी दिल्लीत 2020 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलनाक हजर रावपाक इत्सूक आशिल्ल्या गोंय राज्यातल्या 60 वर्सा पिराये सकयल्या अनुसूचीत जमातीच्या सदस्यांनी विहित नमुन्यातल्यान आपले अर्ज नाव, नामो, जल्म तारीख, पिराय, आवय-बापायचे नाव, घोव-बायलेचे नाव, फोन नंबर, जमात-जातीचो दाखलो, कुटुंबाची वर्सूकीं येणावळ आनी हेर म्हायती सयत 14 सप्टेंबर 2019 मेरेन संचालक, आदिवासी कल्याण संचालनालय, 5 वो माळो, श्रमशक्ती भवन, पाटो-पणजी हांगा सुपूर्द करपाक जाय.

नवी दिल्लीत 2020 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलनाक हजर रावपाक दोगां प्रतिनिधींची ( एक दादलो आनी एक बायल) निवड करतले. निवड जाल्ल्या प्रतिनिधींनी पारंपारिक भेसात प्रजासत्ताक दीस संचलनाक हजर रावपाक जाय आनी नवी दिल्लीत 22 जानेवारी 2020 ते 2 फेब्रुवारी 2020 मेरेन रावचे पडटले. गोंय ते नवी दिल्ली दुसरो वर्ग रेल्वे प्रवासाचो येवपा-वचपाचो खर्च, रावपा-जेवणाचो खर्च राज्य सरकार करतले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/573

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA